प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां आंबेडकर जयंती निमतान हरियाणाक भेट दितले. सकाळीं तो हिसाराक वचतलो आनी हिसार सावन अयोध्याक वचपी वेवसायीक विमानाची ध्वज दितलो आनी हिसार विमानतळाच्या नव्या टर्मिनल इमारतीचो बुन्याद घालतलो. श्री मोदी भौशीक बसकेंतय संबोधन करतले. ते उपरांत प्रधानमंत्री यमुनानगरांत उदरगत प्रकल्पांचें उक्तावण आनी बुन्यादी फातर घालतले आनी ह्या निमतान मेळाव्याक संबोधन करतले.यमुनानगरांतल्या दीनबंधु छोटू राम उश्णताय वीज प्रकल्पाच्या 800 मेगावॅट आधुनीक उश्णताय वीज युनिटाचो बुन्याद घालतले. गोबरधन येवजणेची नदर मुखार व्हरून प्रधानमंत्री यमुनानगरांतल्या मुकरबपूरांत संपीडित बायोगॅस प्लांटाची बुन्याद घालतले. तशेंच भरतमाला परियोजना खाला सुमार 1,070 कोटी रुपया मोलाच्या 14.4 किमी रेवाडी बायपास प्रकल्पाचें उक्तावण श्री मोदी करतले.

मोदी सरकारान सहकार मंत्रालय तयार केल्या उपरांत भारताच्या सहकारी क्षेत्रांत जाल्ल्या परिवर्तनकारी बदलांची केंद्रीय गृह आनी सहकारी मंत्री अमित शाहान तोखणाय केली. भोपाळांत राज्य पांवड्यावेले सहकारी परिशदेंत उलोवप करतना श्री शाहान भारताच्या इतिहासांत पयलेच खेपे ग्रामीण उदरगत, शेती, आनी पशुपालन हांचो एकवटीत पद्दती खाला सरकारान कसो एकठांय केलो हाचेर भर दिलो.सहकारी नेमांक प्रमाणीत करपाक केंद्र सरकाराची भुमिका तांणी उजवाडायली, सगळ्या राज्यांनी आदर्श उपनियम आपणायले. हाका लागून ह्या क्षेत्राक परतून जिवीत मेळ्ळां, आतां सहकारी बँको अल्पकाळांतल्या शेतकी अर्थीक मळा भायर विस्तार करतात अशें शाहान नदरेक हाडलें.बियो, सेंद्रीय, निर्यात सहकारी संस्थां वरवीं शेतकारांक फावो ते दर आनी बँक खात्यांत थेट फारीकपण मेळटा अशें तांणी सांगलें.

देशभरांतले म्हामार्ग घटमूट करपा खातीर फुडल्या दोन वर्सांत 10 लाख कोटी रुपयांची गुंतवणूक करपाची येवजण सरकारान आंखल्या, तातूंत ईशान्य आनी शिमेवयल्या वाठारांनी खासा लक्ष केंद्रीत केलां.खबरां एजन्सी कडेन दिल्ले मुलाखतींत रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें, फुडल्या दोन वर्सांत देशाच्या मुळाव्या साधनसुविधांचो व्हड प्रमाणांत बदल घडोवन हाडपाक केंद्र वावुरता, जाका लागून संवसारांतल्या सगळ्यांत बऱ्या मुळाव्या साधनां कडेन जुळटा. तांणी स्पश्ट केलें, सरकार ईशान्येक मुळावी बांदावळ वाडोवपा खातीर प्रकल्प हातांत घेवपाची येवजण आंखल्या, जंय रस्ते अमेरिकेंतल्या रस्त्यांक स्पर्धा करतले.

विकसीत भारत उबारपा खातीर डॉ.भीम राव आंबेडकर हांच्या समता, न्याय आनी भावपणाच्या दृश्टीकोनांतल्यान प्रेरणा घेवपाचें आवाहन केंद्रीय युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्री डॉ.युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान आयोजीत केल्ल्या जय भीम यात्राक ध्वज दिवचे पयलीं पाटणाच्या इतिहासीक गांधी मैदानांत माय भारताच्या तरणाट्यांक आनी स्वयंसेवकांक संबोधीत करतना डॉ. देशांतल्या तरणाट्यांनी भारतीय संविधानाच्या भावनांचो आदर आनी पाळो दिवचो पडटलो अशें तांणी म्हणलें. एकचारान मुखार वतना आमच्या मुळां चो अभिमान घेवप गरजेचें आसा, आनी भारतीय नागरिकां मदीं कर्तव्य आनी जापसालदारकेची भावनाचेर लक्ष केंद्रीत करून ‘राष्ट्र पयली’ ची भावना रुजोवप गरजेचें अशें केंद्रीय मंत्री हांणी सांगलें.

नॅशनल फॉरेंसिक सायन्सेस युनिव्हर्सिटी- एनएफएसयू हांणी आयतारा नवी दिल्लींत फिल्म फॉरेंसिकाचेर परिसंवाद घडोवन हाडलो. विज्ञान आनी सिनेमा कथा सांगपा मदलो फरक पयस करून न्यायालयीन तज्ञ, चित्रपट निर्माते आनी विद्यार्थ्यां मदीं संवाद आनी सहकार्याची मंच तयार करप हो परिसंवादाचो हेत

आसा. ह्या वेळार उलयतना लोकसभा खासदार आनी नामनेची अभिनेत्री हेमा मालिनी हांणी सांगलें, समकालीन शास्त्रीय तपास पयलीं परस चड गुंतागुंतीचो आसा, . विज्ञान आनी सामान्य लोकां मदलो संबंद म्हणून चित्रपट काम करपाक शकतात अशें तिणें टिप्पणी केली

आयज सावन देशांतल्या वेगवेगळ्या वाठारांनी पारंपारीक कापणी उत्सव मनयतात. पंजाबांतले लोक 'वैसाखी' मनयतात, जाल्यार केरळ लोक ताका 'विशू' म्हणटात, अस्तंत बंगालांत ती 'पोयला बोयशाख', आसामांत 'बोहाग बिहू' म्हणून मनयतात. तमिळनाडूंतले लोक 'पुथांडू' ह्या नांवान हो उत्सव मनयतात. देशाच्या उत्तर भागांत लोक आयज पुराय उमेदीन आनी भावपणान वैसाखीचो वसंत ऋतूंत कापणीचो उत्सव मनयतात. खास करून पंजाब आनी हरियाणांतले शेतकार बरे पिकावळी खातीर उपकार मानतात आनी फुडल्या वर्सा समृध्दी खातीर प्रार्थना करतात.

ह्या वेळार राष्ट्राध्यक्ष द्रौपदी मुर्मू, उपाध्यक्ष जगदीप धनखर आनी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी लोकांक येवकार दिला

भारत – रशिया राजनयिक संबंदाची 78 वर्सां पुराय जावपाची परब मनोवपा खातीर आयतारा नवी दिल्लींत सायकल रॅली घडोवन हाडली आनी तातूंत 300 परस चड लोकांनी ह्या कार्यावळींत वांटो घेतलो. तशेंच सायकल रॅलींत १९४१-१९४५ वर्साच्या व्हड देशभक्तीच्या झुजांत रशियेन मेळिल्ल्या जैताच्या ८०व्या वर्साचोय उगडास केलो.राजकारण, वेपार आनी तंत्रगिन्यान, विज्ञान, शिक्षण आनी संस्कृताय हांचे मदल्या संबंदांचें प्रमाण आनी खोलाय हाका लागून रशिया आनी भारत हांची रणनिती भागीदारी वेगळी आसा अशें रशियन दूतावासान सांगलां.